# रोजगार निर्माण करपाखातीर गोवा बाजार, ग्लोबल व्हिलेज प्रकल्पाचो प्रस्ताव-श्री.साळगांवकर

ता. 15 जानेवारी 2019
25 पौष 1940

गोंय राज्यातले कारागिर,आप मजत गट आनी थळाव्या लोकांक रोजगार दिवपाखातीर गोंयात ग्रामीण विकास यंत्रणेखाला ''गोवा बाजार'' आनी ''ग्लोबल व्हिलेज'' अशें दोन म्हत्वाचे प्रकल्प हाडपाचो प्रस्ताव आसा, अशें घरनिर्माण आनी ग्रामीण विकास मंत्री श्री, जयेश साळगांवकर हांणी सांगलें.

श्री.साळगांवकर आयज गोंय उपजिविका मंचान ''उपजिविका सुरक्षा आनी गोंय'' हया विशयाचेर आयोजित केल्ल्या चर्चासत्रात मुखेल सोयरे म्हुण उलयताले.

श्री.साळगांवकर हांणी फुडें सांगले, गोवा बाजार आनी ग्लोबल व्हिलेज प्रकल्पात थळावे तशेंच देशातले कारागिरी, वेवसायिकांक आपली उत्पादनां विकपाक दवरूक मेळटली. हे प्रकल्प पर्यावरणाक पोशक आसतले आनी ताचो फायदो आप मजत गटांकय आपल्या म्हालाची विक्री करपाक जातलो.

नॅस्कॉम फाऊंडेशनाचे श्री. राजीव दार, कारितासचे संचालक फा. मावरीक फर्नांडिस, गोवा घरकाम कामगार संघटनेच्यो अध्यक्ष श्रीमती अरूणा च्यारी, गोवा मायनिंग पिपल्स फ्रंटाचे अध्यक्ष श्री. पुती गावकर, पर्यटन क्षेत्रातले तज्ञ श्री. संजीव सरदेसाय हांणी चर्चेत वाटो घेतलो.

ज्येश्ठ पत्रकार श्री. प्रकाश कामत आनी श्री.धर्मानंद वेर्णेकर हांणी चर्चासत्राचे सूत्रसंचालन केले.

मा/वाप/टीएससां/जॉआ/विगा/सुसुका/2019/40